Master

WRITING IN KONKANI

STD VI

101/03
101
K-9
K. KAN

MASTER WRITING IN KONKANI

STANDARD VI

Designed by
KANAK

Publication No : 523

Rs. 15/-

K, KAN - 1

101/03
SANSKRIT PRATHISTAN (R)

WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY
101 K KAN

00123

A Time Tested Companion of Students and Teachers.

Publishers :
RAJHAUNS VITARAN
1-MEENAKSHI BLDG.,
DR. WOLFANGO DA SILVA MARG,
PANAJI 403 001
PH.: 2220320/2232177
email:rajhauns@sancharnet.in

अनुक्रमणिका

१. निबंद --

१. पावस नाशिल्लो जाल्यार ! १
२. हांवें पळयल्ली एक सर्कस १
३. माड-एक उपेगी झाड ! २
४. उदकाचें म्हत्व ३
५. म्हजी आवडटी परब ३
६. नितळसाण कित्याक ? ४
७. एका दोंगराची आपजीण ५
८. सोबीत म्हजें गोंय ५
९. रस्त्यावयले अपघात ६
१०. सूरश्री केसरबाय केरकार ७
११. दादा वैद्य ८
१२. टीवी आमचो इश्ट ? ८
१३. डॉ. होमी भाभा ९
१४. एका रस्त्याची आपजीण १०
१५. खेळाचें म्हत्व ११
१६. आमच्या गांवची न्हंय ११
१७. डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर १२
१८. इश्कोलाची पिकनीक १३
१९. शेतकामती १४
२०. नुस्त्या बाजारांत एक वर १४

2. काणी --

१. कश्टाचें फळ १६
२. माकडाचें काळीज १७
३. बेब्यालें घर १८
४. प्रयत्नांत परमेश्वर १९

3. मुद्द्यांच्या आदारान काणी ---------------

१. कुल्ली आनी बकें २२
२. दोग इश्ट २४

४. आकलन -- २७

५. अणकार -- ३३

ISBN 81-7810-322-2

१ निबंद

१. पावस नाशिल्लो जाल्यार !

पावस नाशिल्लो जाल्यार कितें जातलें आसलें? न्हंयो बांयो सुकतल्यो आसल्यो. झाडां पेडां करपून वतलीं आशिल्लीं. पाचवीचार धरतरी सुकून तट्टटीत जावन फुट्टली आसली. मोनजातूच न्हय जाल्यार तमाम मनीस तानेन खासावीस जावन प्राण सोडटले आसले! खरेंच, पावसाबगर हो संवसार कितलो अर्दकुटो जातलो? धरतरेवयल्या तमाम वनस्पतींक आनी जिवांक संजीवनी पावसूच दिता.

एका वेळार खाणाजेवणाबगर मनीस कांय दीस काडूंक शकता पूण उदकाबगर ताच्यान एकूय दीस काडूंक जावचोना. पावस हो आमचो इश्ट. पावस आमचीं शेतां भाटां पिकयता. फळफळावळ पिकयता. हालीं तेंपार पावस साप्प उणो पडटा आनी मागीर मार्च लागूंलागूंक आमच्यो बांयो पयपाणटे सुकयता. सध्या गोंयांत पियेवपा उदकाचो उणाव फकत उण्या पावसाक लागून जाला देखून पावस गरजेचो. धरतरेचो समतोल सांबाळूंक पावस नेमान पडूंक जाय, सैमाचें तरणेपण पावसूच तिगोवन दवरता. देखून पावस आमकां जाय.

२. हांवें पळयल्ली एक सर्कस

तो दीस सुटयेचो आसलो. आदले रातीकडेन बाबान सांगिल्लें फाल्यां सर्कस पळोवंक या म्हूणून. हांवें सर्कस केन्नाच पळोवंक नासली. सर्कशीचें नांव आयकनाफुडें आमकां उपाट खोस जाली.

मडगांवां नव्या प्रासा लागसार सर्कशीचो एक व्हडलो तंबू उबो केल्लो. बाबान सगल्यांच्यो तिकेटी काडल्यो. भितर सरतना एक मनीस तिकेटींचें नंबर तपासून

भितर सोडटालो. भितर चिक्कार गर्दी आसली. चड करून इश्कोलाचीं भुरगींच दिसतालीं. संगिताच्या तालार एकाफाटल्यान एक अशो जायत्यो चलयो एकाच भेसांत सायकलीर बसून वोल्ता मारूंक लागल्यो. एकेय साकयलीक गी नासली. चलयो हात सोडून सायकली चलोवन लोकांकडल्यान शाबासकी घेताल्यो. मागीर जाली दोन हतयांची फुटबॉल मॅच. तांचे फाटोफाट घोडे, ऊंट, वाग, शींव भायर आयले. मरणगोलांत एक बायल आरतीपरती मोटारसायकल चलयताली. तें पळोवन म्हज्या आंगार कांटो उबो रावलो. विचित्र झेतान सर्कशींतले विदुशक करामती करून लोकांक हांसयताले. झोंपाळयावयलो खेळ पळोवन हांव सामको अजापीत जालों आनी केन्ना तीन वरां सोंपलीं कळ्ळेंच ना.

३. माड-एक उपेगी झाड !

माडाक कल्पवृक्ष म्हणटात! कल्पवृक्ष जाय तें दिता. खरेंच, माड एक भोव उपेगी झाड. गोंयकारांलें जेवण नाल्लाबगर पूर्ण जायना. हुमणाक, रोसाक, भाजयेक-खंयचोय जिनस घेयात, नाल्ल आमकां जायच पडटा. गोंयकार जेन्ना नवें घर बांदता तेन्ना आपल्या घरामुखार एक दोन कावथे रोयता. माड फकत फळूच दिना; माडाचे वांशे घराक उपकरतात. व्हिरांच्यो सान्नी करतात. चुडटांनी खोंपी शिंवतात. गोंयांत माडाची सूर काडून सोरोय तयार करतात.

केरळ राज्यांत माडाचें सगल्यांत व्हड पीक. गोंयचे रेंवट आनी खारे मातयेच्या वासान माडाची बरी वाड जाता. आमच्या गोंयांत बाणावले जातीचो माड बेगीन रुजता आनी फळांय बेगीन येतात. आमच्या घरा फाटल्यान माडांचें एक ल्हानशें भाट आसा. दर तीन म्हयन्यांनी बाबा पाडेली हाडून पाडो करून घेता. भाट पाडटात तेन्ना हांव पाडेल्या फाटल्यानूच रावतां कारण म्हाका आडसरां आवडटात हें तो जाणा. माड एक भोव उपेगी झाड. नाल्लाक अमृताचें फळ म्हणटात. हिंदूंच्या देव देवसपणांत नाल्लाक सगल्यांत व्हड मान आसा.

४. उदकाचें म्हत्व

'मनीस जेवपाक जगना, जगपाक जेवता' अशी एक म्हण आसा. अन्न, उदक आनी आलाशिरो ह्यो मनशाल्यो तीन मुळाव्यो गरजो. एका वेळार जेवणाबगर आमी एक दोन दीस काडूंक शकत पूण उदकाबगर आमच्यांनी कशेंच रावूंक जावचेंना.

उदकाचें दुसरें नांव म्हळ्यार जीवन. जीवन म्हणल्यार जिवीत. धरतरेवयली कीड मूय सगलींच जीवश्रृश्ट उदकाचेर जगता. देखून उदकाक जीवन अशें म्हणलां. मनीस जेन्ना खंयच्याय जाग्यार राबितो करूंक सोदता तेन्ना तो सगल्यांत पयलीं उदक कितलें लागीं आसा हाचेविशीं थाव घेता आनी मागीर थंय राबितो करता. उदकाक कसलोच पर्याय ना. जमनीपोंदा विपूल प्रमाणांत आशिल्ली ही जलसंपत फुडाराखातीर आमी राखून दवरूंक जाय. पूण जायते खेपे आमी हो विशय तितले बारीकसाणीन घेनात. रस्त्याकुशीच्यो पायपलायनी फुट्टात आनी हजारांनी लिटर उदक पेड्डेर जाता. बांदकामां चलतात थंयूय हीच परिस्थिती. देखून उदकाची नाशाडी जावंक जायना.

उदक म्हळ्यार जीवन. ताचो सांबाळ आमी तुमी सगल्यांनीच करूंक जाय.

५. म्हजी आवडटी परब

म्हजी आवडटी परब म्हणल्यार दिवाळी. ही परब आमी आमच्या घरांत खाशेले रितीन मनयतात. दर वर्सा दिवाळेक बाबा आमकां नवे कपडे शिंवता. दिवाळे आदले रातीकडेन आमी सगले जाण एकठांय येवन नरकासुराची प्रतिमा करून फांतोडेर ती लासतात. पूण रस्तो आनी भौशीक सुवातेर मात आमी ती लाशिनात.

दिवाळी म्हणल्यार उजवाडाची आनी गिन्यानाची परब. वायटपण, कुण्णाटेपण, दुस्मानपण अशा प्रवृत्तींचो नायनाट करप. हो दिवाळेचो संदेश. आमचे भितरलें अज्ञान पयस करप आनी बऱ्या विचारांचो प्रचार करप आनी ते आचरणांत हाडप! दिवाळी खरें म्हणल्यार खंयच्याच एका धर्मांतल्या लोकांचो सण जावंक उपकरना. तो सार्वजनीक उत्सव जावंक जाय. दिवाळे निमतान सगल्याच घरांनी गोडशें करतात. तातूंत फोवाचे पदार्थ हें एक मुखेल आकर्शण. म्हाका ही परब चड आवडटा ताचें आनिकूय एक कारण आसा आनी तें म्हळयार बाबा म्हाका दिवाळेक जायत्या तरांचो फोग घेवन दिता. दिवाळे दिसा खूबशा घरांनी लक्ष्मीपुजन करतात. चड करून वेपारी वर्ग आपल्या मांडपसऱ्यार लक्ष्मीची पुजा करतात. दिवाळेचो शूभ संदेश दिवपी रंगरंगयाळीं भेट कार्डां धाडून आमी खोशी मनयतात. आमी दर वर्सा उमेदीन दिवाळेची परब मनयतात.

६. नितळसाण कित्याक ?

सुरज म्हज्या वर्गांत शिकता. आमचो क्लसटिचर ताका चड करून वर्गांत उबो करून दवरता ना जाल्यार भायर घालता. पयर ताका सरान घरा धाडून आंगावयलो गणभेस बदलून येवपाक सांगिल्लें.

सुरजालीं नाखटां वाडलेलीं आसतात. ताच्या आंगाक घामसाणी येतात. आंतऱ्या पयऱ्यान तो वर्गाक दांडी मारता. चडशीं भुरगीं ताचेवांगडा खेळूंक वचनात कारण तो सदांच बुरसो आसता. आमचो सर नितळसाणेविशीं आमकां सदांच माहिती सांगता. पूण सुरज तें कानामनार घेना. आमी आमची कूड सदांच नितळ दवरूंक जाय. सद्दां न्हावंक जाय. दांत, कान, नाक नितळ दवरूंक जाय. चडशीं दुयेंसां बुरशेपणाक लागून जातात. कूड निवळ दवरल्यार कसलेच तरेची रोग पिडा जावंक पावना. शरीर नितळ आसल्यार मन रमता नाजाल्यार सुरजाची गत जाल्या तशें जातलें. हांव म्हजी कूड सदांच नितळ दवरतां.

७. एका दोंगराची आपजीण

रिमा, तुका खबर आसा हांव केन्ना जल्मलों तें? हजारांनी वर्सां पयलीं जेन्ना ही धरतरी जल्माक आयली तेन्ना म्हजो जल्म जालो. एका काळार ही धरतरी सपाट आसली. जशीं जशीं वर्सां गेलीं तशीं तशीं तिचेर धोंगां पोंगां दिसपाक लागलीं. हांव दोंगर! म्हणल्यार धरतरेक आयिल्लें एक व्हडलें धोंग कशें. म्हजेर जी पाचवीचार वनस्पत दिसता ती पावसाच्या बरेपगान. म्हजे कुशींत कितलेशेच तरेची मोनजात व्हड उमेदीन जियेताली. पूण तुमी मनशांनी झाडां मारून व्हेलीं आनी म्हाका सुळसुळीत करून उडयलो. म्हज्या आंगाखांदार नाचपी खेळपी असंख्य जिवांक घरून ना करून उडयले.

आयज म्हजेभशेनूच म्हजे असंख्य ल्हानव्हड भाव हीच खंत भोगीत आसात. तुमी मनशां वचत ताचेर दोळो दवरून आसतात. रस्त्याक, पुलाक, धरणाक माती जाय पडली तेन्ना तुमी ती म्हजें आंग खरपून खरपून व्हेली. दोंगर कापपाक खंय सरकाराली परवानगी लागता. कायदेच केले म्हूण म्हजें रक्षण जावचें ना. काय बरो म्हजो सैमीक आकार इबाडून उडयलो. तुमकां पावस हाडपाक हांवूच मजत करतां. तुमकां थंडाय आनी शितळसाण म्हजेवरवींच मेळटा. म्हजो सांबाळ म्हणल्यार पर्यावरणाचो सांबाळ. हाचेफुडें तरी म्हजे कुडके करूं नाकात. कळ्ळें मगो तुका रिमा?

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000123

८. सोबीत म्हजें गोंय

भारताच्या नकशार तुका बारीक नदरेन गोंय सोदचें पडटलें. सगल्यांपरस ल्हान राज्य म्हणल्यार गोंय. गोंय ल्हान पूण कीर्त म्हान. भारताचे अस्तंत देगेर गोंय वसलां. गोंयची सोबीतकाय वर्णूक उतरां उणीं पडटलीं.

गोंयची राजभास कोंकणी. गोंयांत रावपी गोंयकार कोणूय आसूं, खारवी नाजाल्यार कुळवाडी, रेंदेर वा पदेर! गोंयचे लोक ओंर्राद, मनान नितळ आनी

मोगाळ, दारार आयिल्ल्याक च्या पाणी दिवन परामर्स करपी गोंयकार सुसेगाद ....! पणजी ही गोंयची राजधानी. सुमार चवदा लाख लोकसंख्या आशिल्ल्या गोंयांत जायते भायले लोक येवन रावल्यात. मांडवी आनी जुवारी ह्यो गोंयच्यो मुखेल न्हंयो. कोलवें, कळंगूटच्यो वेळो पळोवन सगलेच अजापीत जातात. फोंडें म्हालांतलीं देवळां गोंयकारांची खाशेली संस्कृताय आनी धर्मीक एकचार दाखयतात. हांगा भेट दिवपी भोंवडेकार गोंयच्या सायबाचे भक्तीन पोरण्या गोंयां मुजरत पांय लावन वतात. सैमान उपाट शिरंगारिल्ल्या गोंयांत मिनाचो उद्देग मोट्या प्रमाणार प्रदुशण करूंक लागला. आमी गोंयकारांनी गोंयची संस्कृतीक परंपरा आनी गांवगिऱ्या वाठारांतली लोककला सांबाळूंक जाय. उबाळाच्या दिसांनी आंबे, काजू, पणस आनी हेर फळावळ हांगा भरपूर प्रमाणार पिकता. शीत, कडी आनी नुस्तें गोंयकारांचें मुखेल अन्न. हालींसरा शेजारच्या राज्यांतले असंख्य लोक गोंयांत येवन बुरशेपणां करूंक लागल्यात. पर्यटन उद्देगांत गोंयान आयज बरेंच नांव जोडलां. सोबीत म्हज्या गोंयांत गोंयकार परकी जायना जावंक देवाकडेन आमी प्रार्थना करुया.

९. रस्त्यावयले अपघात

पयर आमचे शाळेंत मार्ग अभियान हे संस्थेचे कांय आपवावुरपी कार्यकर्ते आयिल्ले. तांणी आमकां भुरग्यांक रस्त्यावयल्या अपघातांची पुराय माहिती सांगली आनी दर एकल्यान अपघात टाळूंक कसली खबरदारी घेवची हाची सविस्तर विस्कटावणी केली.

वचत थंय अपघात वाडत आसात. खंयचेंय खबरेपत्र हातांत घे. तुका अपघातांत जीव वगडायल्ल्याच्यो एक दोन खबरी वाचूंक मेळटल्योच. गोंयांत अपघात जावपाचो आंकडो दिसान दीस वाडत आसा. चड करून सोरो पियेवन गाडी चलोवप, वोल्तांचेर फुडले गाडयेक फाटीं घालपाचो यत्न करप, हिसपाभायर वाहनाची गती वाडोवप, पॅसेंजर मेळोवपाचे सर्तींत रस्त्यार चलतल्याचो जीव घेवप. अशीं एक ना दोन -

जायतीं कारणां आसात. गोंयच्या रस्त्यांचेर वाहनांची संख्या वाडत आसा आनी रस्ते अपुरे पडपाक लागल्यात. येरदार कायद्याचें दर एकल्यान जर पालन केलें जाल्यार रस्त्यावयले अपघात उणे जातले. हांव रस्त्यान चलतना वा सायकल चलयतना सदांच जतनाय घेतां. रस्त्यावयले अपघात टाळप आमच्याच हातांत आसा. अपघात कायदे करून उणे करप शक्य ना. ते उणे करूंक दर एकल्यान सहकार करपाची गरज आसा. देखून ती एक भौशीक जापसालदारकी अशें समजून आमी वावराक लागूंक जाय.

१०. सूरश्री केसरबाय केरकार

गोंय हें कला आनी संस्कृतायेचें आगर. आयजमेरेन गोंयांत जायते कलाकार जल्माक आयले आनी तांणी संवसारांत नामना जोडली. देखीक लता मंगेशकार, पं. जितेंद्र अभिशेकी, मोगूबाय कुर्डीकार. सूरश्री केसरबाय केरकार ह्यो तांतल्योच एक.

फोंडें तालुक्यांतल्या केरी ह्या गांवांत एका संगीतप्रेमी घराण्यांत केसरबायचो जल्म जालो. तांच्या घरांत सदांच गायन वादनाचे कार्यक्रम चलताले आनी हाकाच लागून ल्हानपणापसून केसरबायक गायनाची आवड निर्माण जाली. तांच्यो गायनाच्यो कार्यावळी मुंबयंतूच न्हय तर कलकत्त्याक जांवंक लागल्यो. कलकत्त्याक अशीच संगीत मैफल आशिल्ली. सगलें सभाघर उपाट भरिल्लें. केसरबाय तल्लीन जावन गायन करताल्यो. तीन वरां सोंपलीं पूण एकूय प्रेक्षक उठूंक तयार जालोना. अशें तांचें गाणें आसलें. मुखार कलकत्त्याक गेल्लेकडेन रवींद्रनाथ ठाकुरान तांचो भोवमान घडोवन हाडलो आनी तांकां सूरश्री अशी पदवी दिली. मुखार भारत सरकारान तांकां पद्मभूषण पुरस्कार दिवन तांचो भोवमान घडोवन हाडलो. आयजवेर आमच्या गोंयान देशाक जायते बरे कलाकार दिले. सूरश्री केसरबाय एक श्रेश्ठ कलाकार आसल्यो. संगीत क्षेत्रांत तांणी आपलें नांव तमाम गोंयकाराच्या मनांत कोरांतलां.

११. दादा वैद्य

सुमार पन्नास साठ वर्सां पयलींची गजाल. त्या काळार गोंयांत पुर्तुगेज राज्य करताले. गव्हर्नर गाल्ल्यार्दालो चलो अकस्मात दुयेंत पडलो. गव्हर्नरान व्हडले व्हडले दोतोर हाडले. जायतीं वखदां केलीं पूण ताजो पूत मातूय बरो जालोना. निमाणें कोणें तरी सांगलें झाडापाल्याचीं वखदां दिवपी एक दोतोर फोंड्यां रावता. गव्हर्नरान बेगोबेग त्या दोतोराक आपोवणें धाडलें. दोतोरान नाडी पळोवन दुयेंस पारखिलें आनी आपले पोतयेंतलीं पाळांमुळां झरोवन दिवपाक लायलीं आनी भुरगो निवळ्ळो. चार दिसांनी भोंवंक लागलो. झाडापाल्याचीं वखदां दिवपी हो दोतोर आसलो फोंडेंचो दादा वैद्य.

दादा वैद्याचें पुराय नांव रामचंद्र पांडुरंग वैद्य. फोंडें तालुक्यांत केरी गांव हो तांचो जल्मगांव. वखदां दितना गरीब - गिरेस्त असो भेद तांणी पळयलोना. तांचें वैजकी मळावयलें काम पळोवन एके आयुर्वेदीक कॉलेजीन तांकां 'प्राणाचार्य' अशी पदवी दिली. वैजकी मळार वावुरतनाच तांणी शिक्षणीक मळारूय काम केलें. फोंडेंची गोवा विद्याप्रसारक मंडळ ही संस्था तांणीच स्थापन केली. भुरग्यांक शिकतनाच राष्ट्रीयत्वाची रूच निर्माण जावची म्हणून तांणी जायतो वावर केलो. फोंडें बाजारांत पोरण्या प्रासालागीं येरादार जुंव्याभितर एक पुतळो आसा तो दादा वैद्याचो.

१२. टीवी आमचो इश्ट ?

टीवी आनी रेडिओ मनोरंजनाचीं सोंपीं साधनां. एका काळार रेडिओन घरा घरांत जागो आडायल्लो; त्या जाग्यार आयज टीवी पावल्या. शारांबरोबर गांवगिऱ्या वाठारांतूय टीवीन प्रवेश केला. कितेंय आसूं, टीवी आमचेखातीर एक विरंगुळो जाला.

हांव नेमान टीवी कार्यक्रम पळयतां. टीवी पळयतां देखून म्हाका उणे गूण

मेळटात अशें आई शेजाऱ्यांक सांगता. म्हजी धाकली भयण कमलाक जाल्यार टीवी पळयलेबगर ताळयासकयल उंडी वचना. म्हजे जाणटे आजयेकूय टीवी पळोवंक आवडटा. कसलोय कार्यक्रम आसूं, टीवी लायलो म्हणटकर तो आपणें पळोवकूच जाय अशें तिणें बंधन घालून घेतलां. टीवी कार्यक्रम पळोवन खंय दोळे पिड्डेर जातात. पूण म्हाका हें खरें दिसना. टीवी आनी रेडिओ हीं लोकशिक्षणाचीं माध्यमां. संवसारांतल्यो ताज्ज्यो घडामोडी टीवीबाबूच आमचेमेरेन पावयता. टीवी ऑलिंपिकाचे खेळ कसरती दाखयता. चालू वर्सा संवसारीक क्रिकेट सर्त दक्षिण आफ्रिकेंत जाल्ली. ही सर्त पळोवंक वचपाक सगल्यांकच शक्य जावंक ना. पूण टीवीच्या पड्ड्यार आमी चडशो मॅची पळयल्यो काय नात? तूं कितेंय म्हण, टीवी म्हाका सदांच इश्ट कसो दिसता.

१३. डॉ. होमी भाभा

मुंबयक तेंकून आशिल्ल्या ट्रॉंबे शारांत एक अणूशक्ती केंद्र आसा. ह्या अणूकेंद्राचें नांव "भाभा अनुसंधान क्रेंद्र". प्रसिद्द विज्ञानीक डॉ. होमी भाभा हांचें नांव ह्या केंद्राक दवरलां.

डॉ. होमी भाभाचें पुराय नांव होमी जहांगीर भाभा. पारशी कुटुंबांत जल्मल्ले होमी भाभा ल्हानपणासावनूच खूब हुशार आसले. खास करून विज्ञान हो तांचो आवडटो विशय आसलो. घरच्यांनी विज्ञान ह्या विशयाकडेन ताचो वाडटो कल पळयलो आनी ताका मुखावयलें शिक्षण घेवपाक इंग्लंडाक धाडलो. परदेशांतलें उच्च शिक्षण करून ते भारतांत आयले आनी आपलो पुराय वेळ तांणी विज्ञान सोदाक दिलो. अणूशक्तीची जबरदस्त आवड आनी सतत परिश्रम हांकां लागून थोड्याच तेंपान तांणी आपल्या विशयांत येस जोडलें. अणूशक्तीचो वापर फकत विघातक कामाकूच जावं येता हो गैरसमज तांणी पयस केलो. अणूशक्ती बऱ्या कामाक वापरूं येता हें तांणी संवसाराक दाखोवन दिलें. आयज आमचे भितर होमी

भाभा नात पूण तांणी केल्लो वावर आनी परिश्रम फुकट गेलेनात. आयज अणूयुगांत भारत बरोच मुखार गेला हाचें कारण डॉ. होमी भाभा. तांचें रीण आमी भारतीय विसरपाचो विचारूय केन्ना करचेनात.

१४. एका रस्त्याची आपजीण

"आरे बाबा! सांबाळून..... सांबाळून चलय तुजी स्कुटर! खबरी मारूं नाका! पळय.... पळय तुज्या दोळयां सामकार कितलें व्हडलें फोंडकूल आसा तें! चुकून लेगीत एक रोद गेल्यार तुका जगपाक कठीण जातलें! हांसूं नाका! पयर असोच तुजेच भशेन एक तरणाटो अपघातांत सांपडिल्लो...... दर हाताक एक एक फोंडकूल आसा पळय.....

म्हाका रस्त्याच्या जल्माक घालपी कोण हें आनीक हांवें सांगूंक जाय? सदचे भशेन पावण्यो जाल्यो. नाशिलेबाजी ही सदचीच जाल्या. फातर उखलापे घाले. वयल्यान मातयेचो भराव लकयलो. पयल्याच पावसांत म्हजे हाल सुण्याक नाका! तूं म्हणटलो सरकारी अधिकाऱ्यान म्हाका पास करून दाखलो कसो दिलो? तुका आनीक हांवें सांगूंक जाय? अशेंच चलपाचें. तसो हांव मार जाणटो न्हय. पूण पळय मरे पावला पावलाक हीं हीं फोंडकुलां. पयर केन्ना तरी सरकारी इंजनेरान म्हजी तपासणी केल्ली. कपयो मारतले ते. आनीक कितें करतले? म्हजे भशेन म्हज्या भावंडांचीय गत. पयर कोणें तरी खंय तवनासपणां केलीं. दर एका फोंडकुलांत झाडां रोमलीं आनी वनमहोत्सव... पळय.... सांगतां थंय आसां.... कसलो पडपाचो जाणा? जतनाय घेवन गाडी चलय.....मागीर ओगीच म्हाका खेपतलो.

१५. खेळाचें म्हत्व

राजू! दीसभर वाळेस कसो भोंवत राव! गांवभर हेडत राव नाजाल्यार वाड्यावयल्या पोरांट्यांवांगडा बॅटां घेवन नाचत राव. शिकूं नाका! राजूचो बाबा नेमान हीच रिकॉर्ड लायता. राजू सगल्यांपरस क्रिकेट बरी खेळटा. खेळप म्हणल्यार वाळेसपणां करप, वेळ फुकट वगडावप हो ताच्या बापायचो गैरसमज.

सचीन तेंडुलकार शिकपावांगडाच बॅट घेवन खेळटालो. गोंयचो फूटबॉलपटू ब्रह्मानंद फूटबॉलाचो खेळ पळोवंक खंय स सात मैल धांवून वतालो. मुखार होच भुरगो बरो खेळगडो जावन नामना जोडूंक पावलो. काल पयर राजूक खेळटा म्हणून तापोवपी राजूचो बापूय राजूचेर आयज खोशी आसा. कारण क्रिकेट खेळटा म्हणून तर ताचे कॉलेजीन ताका ॲडमिशन दिलें. खेळ आनी व्यायाम अभ्यासाइतलेच म्हत्वाचे. संवसारीक खेळांमळार आयज जपान भारतापरस मुखार आसा. ऑलिंपिकांत भारतान अजून आपलें कसब दाखोवंक ना. चीन कोरिया सारकिले देश आज संवसारीक खेळां सर्तींत बरेच मुखार पावल्यात. आयज दर एक देस खेळाचेर जायतो दुडू खर्च करता. खेळांतल्यान मनशाची भलायकी बरी उरता आनी सिरवीस नोकरेंत खेळगड्यांक पयली सुवात दितात. शरीर आनी मन घटमूट दवरूंक खेळ गरजेचो.

१६. आमच्या गांवची न्हंय

म्हजो बापोलभाव मुकूंद मुंबय रावता. पांचवी मेरेन ताचें शिक्षण गांवांतले शाळेंतूच जाल्लें. ताका आपल्या गांवची कितली व्हडवीक म्हणून सांगूं? सुटी पडली रे पडली, मुंकूद काकावांगडा बद्द घरा येता. म्हयनोभर रावता! दीसभर आमचे बरोबर न्हंयचेर वचून धुमशेण कांडटा.

फोंडेंसावन सुमार बार मैलांचेर म्हजो गांव. गांवची लोकवस्ती जायत तीनशें

ते चारशेंच्या भितर. सैमाच्या आंगणांत आनी दोंगराच्या खांची गोळण्यांत म्हजो गांव परकी मनशाक खूब आवडटा. कारण म्हळयार आमच्या गांवची न्हंय. गिमांत दिमखुऱ्यांनी ल्हान भुरग्याभशेन चलपी ही न्हंय पावसांत मात आकांताचें रूप धारण करता. दूदसागराकडसून असंख्य बारीक मोट्या गांवांक भोंवतड मारीत ही न्हंय आमच्या गांवांत पावता. गांवचो दर एक मनीस, जावं भुरगो वा जाणटो, दादलो वा बायल, गांवचे न्हंयेक लागच्यान वळखता. माया म्हयन्यांत सगल्यो बांयो आटून वतात. पूण आमची न्हंय मात घसघशांनी व्हांवता. सरभोंवतणच्या गांवचे जायते तरणाटे हांगा न्हावंक येतात. तेन्ना न्हंयेचेर जात्रेचें रूप दिसता. आमच्या गांवची न्हंय म्हळयार देवान दिल्लें एक देणें कशें. न्हावप धुवप, कपडे उमळप अशीं सगळींच कामां हांगा जातात. गांवचो दर एक मनीस हे न्हंयेकडेन वेगळयाच नात्यान जोडिल्लो आसा अशें म्हणल्यार लटीक जावचें न्हय.

१७. डॉ. बाबासाहेब आंबेडकर

बाबासाहेब आंबेडकरालें खरें नांव आसलें भीमराव आंबेडकर. मध्य प्रदेशांत महू ह्या ल्हानशा गांवांत तांचो जल्म जालो. तांच्या बापायचें नांव आसलें रामजी सकपाल आनी आवयचें नांव आसलें भीमाबाय. भीमराव आंबेडकरांक शिकतना जायत्या अडचणींक तोंड दिवचें पडलें.

ल्हानपणासावन बाबासाहेबाचें एक हुशार आनी धाडशी विद्यार्थी म्हणून नांव जाल्लें. तांची असामान्य बुद्दीमत्ता पळोवन तांच्या गुरुजीन तांकां जायतो आदारूय दिलो. त्या काळार जाती काती, उच्च आनी हलको असो भट बामण, म्हार चामार, छूत अछूत असल्या भेदाभेदांक चड म्हत्व आसलें. बाबासाहेबांक पळोवन तिडक मारली. तांणी दलीत आनी पिडीत लोकांक एकठांय हाडले आनी समाजीक चळवळ उबारली. दीन दुबळयांक समाजीक न्याय मेळोवन दिवपाचें म्हान कार्य केलें. स्वतंत्र भारताची राजघटणा तयार करपाचें काम तांचेर सोंपयलें. आयज भारतांत

जे पद्दतीन लोकशायेचो राजकारभार चलता तो बाबासाहेबान घालून दिल्ल्या कायद्ये कानुनाच्या आदाराचेर. भारताच्या ह्या व्हड पुताच्या आमी सगले भारतीय सदांच रिणांत उरतले.

१८. इश्कोलाची पिकनीक

पयली स म्हयन्यांची परिक्षा सोंपतां सोंपतां म्हज्या वर्गशिक्षकान म्हजेखातीर एक बरी खबर सांगली ती म्हणल्यार इश्कोलाचे पिकनिकेची. पिकनिकेचें नांव काडलेबरोबर सगलीं तटास जावन आयकूंक लागलीं. आमची पिकनीक वचपाची आसली तेरेखोला.

चार बसी भरून भुरगीं तेरेखोला वचपाक भायर सरलीं. म्हज्या वर्गांतली सगलीं भुरगीं एकेच बसींत बसलीं. वाटेर आमी जायती मजा केली. पदां म्हणलीं, विनोद सांगून एकामेकांक हांसयलीं आनी पळयतां पळयतां शिवोलेचो पूल काडून आमी पेडणें तालुक्यांत पांय दवरलो. आमकां वाटेर मांद्रें, हरमल, केरी बी गांव लागले. आमी सांग्यार रावपी देखून हे गांव हाचेपयलीं आमी पळोवंक नासले.

दनपारां बारा वरांचेर आमी तेरेखोल पावल दवरलें. दरयाचीं चकचकीत ल्हारां आनी भुसभुशीत धवीफुल्ल रेंव आमी जाय तशी माड्डिली, एकामेकाचेर शेंवटिली. तेरेखोलचो किल्लो-गोंयच्या सुटकेझुजाचें एक यादस्तीक. वेचूंक मेळटा तितलें वयर वचून आमी भोंवतणचो समुद्र पळयलो. गोंयच्या सैमाचें एक सोबीत अशें रूप पळोवन मन सामकें खोशेन भरलें. आमचेबरोबर चडशे शिक्षक आसले. आमीं सगलीं एकठांय बसून जेवलीं आनी सांज जातां जातां परतुपाची तयारी केली. आमची पिकनीक विसरून विसरूंक जावची ना अशी! फुडले खेपे तेरेखोला परतून येवपाचो निच्छेव करून हांव बसींत बसलों.

१९. शेतकामती

''मनीस म्हजो चडटा दोंगर! खांदार ताच्या कोयती नांगर'' अशें गोंयचो एक कवी शेतकामत्याचें वर्णन करता. पावसांत, वतांत, दनपारचो, तीनपारचो, तानेची आनी भुकेची परवा करिनासतना शेतकामती रातदीस कश्ट करता देखून शेतांतले भांगरा दाणे म्हज्या ताटांत येतात. शेतकामत्याचे आमी मरसर उपकारी रावूंक जाय.

खांडयांचें पीक काडपी शेतकामती आयज खऱ्यांनीच सुखी आसा? तो रोयता तो कसता म्हणून आमच्या पोटाक पडटा. पूण रगताचें उदक करून कश्ट करपी भारताचो शेतकामती आनी ताची पत आयज खंय आसा काय? विदेशांत खंय दोतोरांक, इंजनेरांक कोण्ण विचारिनात. कारण शेतकामती खंय दोतोर, इंजनेरांपरसूय गिरेस्त! विदेशांत दर एका शेतकामत्याचें व्हडलें घर आसता; एक दोन मोटारी आसतात. तेभायर सगले तरेचें ऐश्वर्य ताच्या वांट्याक आयिल्लें आसता. भारतांत अशी परिस्थिती आसा व्हय! सध्याच्या वेवसायीक जमान्याक लागून गोंयच्या शेतकामत्यांनी शेतां कसपाचीं सोडून दिल्यांत. मिनाची माती पडून शेतांकुणग्यांनी धोंपर धोंपर माती शिंपडायल्या! स्वतंत्र भारतांत शेतकामती खंय आसा काय ? गिरेस्त, मध्यम काय गरीब ?

२०. नुस्त्या बाजारांत एक वर

त्या दिसा सुटी आसली. आईन म्हणलें, कनका, आयज तूंच नुस्तें घेवन यो. तुका जाय तसलें! हांव हाडटां तें तुका मानवना. आनी मागीर म्हज्या मनाआड म्हाका वचचेंच पडलें.

आयतारा सदचे परस बाजारांत चड गर्दी आसली. नुस्तेकान्नी नुस्त्याचीं पांटीं घेवन एके हारीन बसलेलीं. ताल्ले, बांगडे, खांपी, पेडवे, करबट, सुंगटां -

तरातरांचें नुस्तें! ते भायर थंय तिसऱ्यो आनी खुबेकान्नीय फाल्त नासल्यो. एका कोनशाक एक काळोकिट्ट मनीस धवेंफुल्ल बानयान आनी मोटवें कालसांव घालून सुरी घेवन कितें तरी कापतालो. हांवें फुडें वचून पळय जाल्यार तो एक मोट्टो सांगाळो कापतालो. अकस्मात ताची सुरी कच्च करून नुस्त्याच्या बोडकार बसली आनी चिळिक्क करून भोंवतणीं रगताचो शिताडोच पडलो! ताचें धवेंफुल्ल बानयान रगतान तांबडेंगुंज जालें. म्हाका तें पळोवन उमळिल्ले भशेन जालें. उजवे वटेंत सरून हांवें कुल्ल्यांचो एक वांटो घेतलो. नाक दामून हांव परतलें जाल्यार म्हजो पांय हळशिकेंत पडलो. मदींच च्या घेवन भोंवपी एक दोन पोरांटीं आड्डत वतालीं. त्या बोवाळांत कोण कितें उलयता तें आयकूंक येनासलें. आयसफ्रूटकार घांट वाजयत मदींच मुंगरतालो. हांव जीव मुठींत घेवन थंयच्यान एकदांचें कडसरलें आनीक आनी नुस्त्या बाजारांत पांय दवरचेंना असो निश्चय केलो.

●

२ काणी

१. **<u>सकयल दिल्ल्या वाक्यांचो योग्य क्रम लावन एक काणी बरयात आनी तिका फावोशें नांव दियात</u> :**

देखीक :

अ. ताणें जायते प्रयत्न केले पूण ताची चोंच उदकामेरेन पावली ना.

आ. उदक वयर आयलें तें पळोवन कावळ्याक खोस जाली.

इ. एका कावळ्याक एकदां बरीच तान लागली.

ई. इतल्यांत ताचें लक्ष एके मडकेचेर गेलें.

उ. हुशार कावळ्यान हांगा थंय भोंवन जायते फातर एकठांय केले.

ऊ. तो सगल्याक भोंवलो पूण ताका उदक दिसलेंना.

ए. मडकेंत थोडेंशें उदक आसलें.

ऐ. पोटभर उदक पियेवन ताणें आपली तान भागयली.

ओ. एक एक करून ताणें ते फातर तें मडकेंत उडयले.

<u>कश्टाचें फळ</u>

एका कावळ्याक एकदां बरीच तान लागली. तो सगल्याक भोंवलो पूण ताका उदक दिसलें ना. इतल्यांत ताचें लक्ष एके मडकेचेर गेलें. मडकेंत थोडेंशें उदक आसलें. ताणें जायते प्रयत्न केले पूण ताची चोंच उदकामेरेन पावली ना.

हुशार कावळ्यान हांगा थंय भोंवन जायते फातर एकठांय केले. एक एक करून ताणें ते फातर तें मडकेंत उडयले.

उदक वयर आयलें तें पळोवन कावळ्याक खोस जाली. पोटभर उदक पियेवन ताणें आपली तान भागयली. हिकमत आनी जोडयेक कश्ट करपाची तयासी आसल्यार येस मेळटाच.

२. सकयल दिल्ल्या वाक्यांचो योग्य क्रम लावन एक काणी बरयात आनी तिका फावोशें नांव दियात :

देखीक :

अ. आगो पिशा, तुवें हें म्हाका पयलींच सांगपाचें न्हय? हाव काळीज घेवन येवपाचों.

आ. म्हणजे? तुवें काळीज खंय दवरलां तर?

इ. न्हंयचे देगेर एका झाडाचेर एक माकड रावतालो.

ई. थंऽऽय.. खोल उदकांत म्हजी भयण रावता. तिका तुजें काळीज खायन दिसलां.

उ. मानगें तशेंच फाटी परतलें आनी झाडाकडेन आयलें.

ऊ. एक दीस उडकी मारतना तो चुकून उदकांत पडलो.

ए. मानग्यान जुस्त माकडाक चपक्यांत धरलो आनी खोल उदकांत घेवन वचूंक लागलें.

ऐ. माकडान विचारलें, 'मानग्या मावशे, म्हाका तूं खंय घेवन वता?'

ओ. त्याऽऽ झाडार माकडान जाप दिली.

माकडाचें काळीज

न्हंयचे देगेर एका झाडाचेर एक माकड रावतालो. एक दीस उडकी मारतना तो चुकून उदकांत पडलो. उदकांत एक मानगें रावतालें. मानग्यान माकडाक जुस्त चपक्यांत धरलो आनी खोल उदकांत घेवन वचूंक लागलें. माकडान विचारलें, 'मानग्या मावशे, म्हाका तूं खंय घेवन वता?'

'थंय. खोल उदकांत म्हजी भयण रावता. तिका तुजें काळीज खायन दिसलां.' 'आगो पिशा, तुवें हें म्हाका पयलींच सांगपाचें न्हय? हांव काळीज घेवन येवपाचों.' 'म्हणजे? तुवें काळीज खंय दवरलां तर?' 'त्याऽऽ झाडार,' माकडान जाप दिली. मानगें तशेंच फाटीं परतलें आनी झाडाकडेन आयलें. झाडालागीं पावतनाच माकड उडकी मारून झाडार वचून बसलो.

३. **<u>सकयल दिल्ल्या वाक्यांचो योग्य क्रम लावन एक काणी बरयात आनी तिका फावोशें नांव दियात</u> :**

देखीक :

अ. एके बांयंत एक बेबो रावतालो.

आ. एक दीस बेब्यान गर्विश्टपणान नुस्त्याक विचारलें, "तूं खंय सावन आयला?"

इ. जायतो तेंप बांयंत रावपी बेब्याक हेर बेबकांची नसाय आसली.

ई. नुस्त्यान थंडपणान म्हणलें, 'हांव न्हंयंत रावतालों. पावसाच्या हुंवारान चुकून बांयंत पडलों."

उ. एक दीस न्हंयेच्या हुंवारा उदकांतल्यान एक नुस्तें बांयंत पडलें.

ऊ. "हांव व्हडले न्हंयेंत रावतालों" नुस्त्यान म्हणलें.

ए. नुस्त्याक पळोवन बेब्यान पळोवंक नाशिल्ले भशेन केलें.

ऐ. नुस्तें बेब्याक पळोवन बेठेंच हांसलें.

ओ. व्हडली न्हंय म्हणल्यार कितली व्हडली? हे बांयचे इतली व्हडली ?

<u>बेब्यालें घर</u>

एके बांयंत एक बेबो रावतालो. एक दीस न्हंयेच्या हुंवारा उदकांतल्यान एक नुस्तें येवन बांयंत पडलें. जायतो तेंप बांयंत रावपी बेब्याक हेर बेबकांची नसाय आसली. नुस्त्याक पळोवन बेब्यान पळोवंक नाशिल्ले भशेन केलें.

एक दीस बेब्यान गर्विश्टपणान नुस्त्याक विचारलें, "तूं खंय सावन आयला?" "हांव व्हडले न्हंयेंत रावतालों", नुस्त्यान म्हणलें. व्हडली न्हंय म्हणल्यार कितली व्हडली? हे बांयचे इतली व्हडली? नुस्तें बेब्याक पळोवन बेठेंच हासलें.

४. **<u>सकयल दिल्ल्या वाक्यांचो योग्य क्रम लावन एक काणी बरयात आनी तिका फावोशें नांव दियात</u> :**

देखीक :

अ. मुयेचे प्रयत्न पळोवन भुरग्याच्या मनार परिणाम जालो.

आ. एक भुरगो परिक्षेंत नापास जालो.

इ. आनी खूब अभ्यास करून तो परिक्षेक पास जालो.

ई. पिकासांवान जीव दिवपाक म्हणून तो न्हंयेचेर गेलो.

उ. वयर सरता तशी तशी ती वाऱ्याक लागून परत उदकांत पडटाली.

ऊ. जीव दिवपाक गेल्लो भुरगो घरा आयलो.

ए. एक ल्हानशी मूय जीव वाटावपाक उदकांतल्यान पानाचेर चडटाली.

ऐ. कश्टांतल्यान येस मेळटा हें ताका समजलें.

ओ. न्यंयेचे देगेर उबो रावून उदकांत उडकी घेवंक ताची नदर एके ल्हानशे मुयेचेर गेली.

औ. आनी निमाणेकडेन ती पानार चडलीच.

<u>प्रयत्नांत परमेश्वर</u>

एक भुरगो परिक्षेंत नापास जालो. पिकासांवान जीव दिवपाक म्हणून तो न्हंयेचेर गेलो. न्हंयेचे देगेर उबो रावून उदकांत उडी घेवंक ताची नदर एके ल्हानशे मुयेचेर गेली.

एक ल्हानशी मूय जीव वाटावपाक उदकांतल्यान पानाचेर चडटाली. वयर सरता तशी तशी ती वाऱ्याक लागून परत उदकांत पडटाली. आनी निमाणेकडेन ती पानार चडलीच.

मुयेचे प्रयत्न पळोवन भुरग्याच्या मनार परिणाम जालो. जीव दिवपाक गेल्लो भुरगो घरा आयलो. आनी खूब अभ्यास करून तो परिक्षेक पास जालो. कश्टांतल्यान येस मेळटा हें ताका समजलें.

अभ्यास

१. **सकयल अशींच वाक्यां दिल्यांत. तांचो योग्य क्रम लावन अशीच काणी बरयात आनी तिका फावोशें नांव दियात :**

अ. राजान भुरग्याक एका पलंगार न्हिदपाक लावन तरसादीन एका शिपायाक ताचे कुडके करपाक सांगलें.

आ. दरबारांत राजाकडेन न्यायाखातीर एक केश आयली.

इ. दोन बायलो एका भुरग्याची आपूण आवय म्हणून झगडटाल्यो.

ई. राजा न्यायाखातीर प्रसिद्द आसलो.

उ. राजान म्हणलें, ''तुमकां दोगांकूय भुरग्याचे दोन कुडके करून वांटून दितां.

ऊ. भुरग्याची नकली आवय तयार जाली.

ए. राजान म्हणलें, तूंच ह्या भुरग्याची खरी आवय.

ऐ. राजाल्या न्यायान दरबार तटास जालो.

औ. नकली आवयन गुन्यांव कबूल केलो.

२. **सकयल अशींच वाक्यां दिल्यांत. तांचो योग्य क्रम लावन अशीच काणी बरयात आनी तिका फावोशें नांव दियात :**

अ. चोंचींतल्यान नुस्त्याबोडूक जमनीर पडलें.

आ. झाडार बशिल्लो कावळो हें सगलें आयकून फुललो.

इ. वा! कितलो सोबीत कावळो! आनी कितलो गोड ताचो गळो!

ई. कोल्याक कशेय भशेन नुस्त्याबोडूक मेळोवपाचें आसलें.

उ. झाडामुळांत एक कोलो आसलो.

ऊ. नुस्त्याबोडूक घेवन कावळो झाडार वचून बसलो.

ए. एकदां एक कावळयाक एक नुस्त्याबोडूक मेळ्ळें आनी चोंच उगडून कावळयान मोट्यान काव काव केलें.

ऐ. नुस्त्याबोडूक पळोवन ताचे जिबेक उदक सुटलें.

ओ. कावळयाक फुलोवपाखातीर ताणें म्हणलें, जायते दीस जाले हांवें कावळयाचें कांतार आयकूंक ना.

औ. कोलो नुस्त्याबोडूक घेवन पसार जालो.

३ मुद्द्यांच्या आदारान काणी

१. **सकयल दिल्ल्या मुद्द्यांचेर आदारून काणी बरयात आनी तिका फावोशें नांव दियात :**

एका तळयांत जायतीं नुस्तीं -------- तळें सुकून नुस्तीं मरतलीं असो बक्यान सगल्यांक भंय घालप ------------- एका एका नुस्त्याक चोंचींत धरून दरयांत सोडटां अशें फट सांगून खावप ---------------- निमाणेकडेन कुल्लेची पाळी ------------ दरयादेगेर रासभर कांटे पळोवन बक्याचीं फटींगपणां कळप ----------- कुल्लेन बक्याक गोमटेक घांस मारून मारप ------------.

कुल्ली आनी बकें

तुमी करमळेचें तळें पळयलां आसतलें. शिरोडेंचे सरादीक रानांत अशेंच एक तळें आसलें. तळें तितलें खोल नासलें. दर वर्सा पावस उणो पडटा ताका लागून दिशीं दिशीं तळें आटत आसलें. तळयांत जायतें नुस्तें आसलें. तळयादेगेर एक बकें रावतालें. उदकांतलें नुस्तें पळोवन बक्याचे जिबेक उदक सुट्टालें. बकें नुस्त्याचेर झोंपय मारतालें पूण ताचे चोंचींत चुकुनूय एक काड्डूक लागनासलें. कारण नुस्तीं खोल खोल उदकांत वचून बुडटालीं.

बक्यान चींत चींत चिंतलें. तळयांतलें नुस्तें कसो खातलो? तळयांत उदकूय चड आसलें. पावस लागीं पाविल्लो. तळें सुकपाची आस्त नासली. पूण बकें तकलेन फीन आसलें. इत्सा आसल्यार मार्ग आसा. नुस्तीं खावचेली ताणें एक येवजण आंखली. नुस्त्यांनी आयकुंचें इतल्या व्हड आवाजान ताणें म्हणलें,

"भंगूं ह्या नुस्त्यांचें. तळें सुकपाक पावलां. फाल्यां परवां म्हळयार हीं सगलीं नुस्तीं पटापट मरून वतलीं.

उदकांतलीं नुस्तीं हें आयकतालीं. एकल्यान बक्याक विचारलें,

"बकेमाम, हाचेर कसलो उपाय आसा?"

बक्यान नाटकी सुरांत म्हणलें, "एक उपाय आसा. थंऽऽय फुऽऽडें एक दरया आसा. हांव एक एकल्याक चोंचींत धरतां आनी दरयांत व्हरून सोडटां!

नुस्त्यांनी आपलेभितर विचार केलो आनी बक्याले येवजणेक मान दिवन म्हणलें, "चल तर! बऱ्या कामाक वगत कित्याक? धर म्हका चोंचींत."

बकें भितरल्यान खोशी जालें. सगलें येवजणे प्रमाण जालें. दर दिसा एक दोन नुस्तीं उदकाभायर हाडून तें खायत रावलें. बक्याले दीस उमेदीन वताले. करतां करतां सगलीं नुस्तीं सोंपलीं. निमाणी उरली ती कुल्ली! कुल्लेन बक्याच्या पांयांक धरलें. बकें उडून तळयादेगेर वच जाल्यार कितें पळयतलो? रासभर नुस्त्या कांटे! कुल्लेक बक्यालीं फटींगपणां कळ्ळीं. तिणें रागाभरशीं बक्याक गोमटेक घांस मारून जिवो मारलो. शेराक सवायशेर म्हणटात तशें. कुल्लेन बक्याक सारकी बुद्द शिकयली.

२. **सकयल दिल्ल्या मुद्द्यांचेर आदारून काणी बरयात आनी तिका फावोशें नांव दियात :**

दोग इश्ट ------------- शिकतना फुडाराक गिरेस्त जावपाचीं दोगांलींय सपनां -------------- व्हड जातकच एकल्यान चिकाटेन आनी कश्टान वेपार करप --------------- दुसऱ्यान बऱ्यो बऱ्यो नोकऱ्यो करून धरून सोडप ------------- वेपारी इश्ट हळूहळू गिरेस्त जावप ------------- नोकरी करपी इश्ट आसा तसोच उरप.

दोग इश्ट

एका शारांत दोग इश्ट आसले ल्हानपणासावन दोगूय बरोबरूच शिकताले. एकल्याचें नांव गजा आनी दुसऱ्याचे नांव गोपीनाथ. गजा आनी गोपीनाथ लागींलागींच रावताले. एक दीस जर एकामेकाक मेळ्ळेनात जाल्यार दोगांकूय जेवणखाण चलनासलें. तांचे भितर सामकी घट्ट इश्टागत आसली.

गजा शिकपाक सुमाराचो आसलो. पूण गोपिनाथ शिकपाक हुशार आसलो. शिक्षण सोंपले उपरांत मुखार कितें तरी बरें करून दाखोवचेली जिद्द दोगांय भितर आसली. फुडाराक खूब व्हड जावन गिरेस्तकाय जोडची अशीं सपनां दोगांकूय पडटालीं. इत्सा आसा थंय मार्ग आसा अशी एक म्हणणी आसा. कॉलेज शिक्षण जालेबरोबर गजा ल्हान व्हड नेगोसां करपाक लागलो. पयलीं तो फळां विकतालो मागीर ताणें बाजारांत एक भाड्याचें दुकान चलोवंक घेतलें.

गोपीनाथ भुरगेपणांतल्यान हुशार आसलो. एका खाजगी ऑफिसांत तो हिशोब बरोवंक लागलो. कामाची फिशालकाय पळोवन ताका एके कंपनीन चड पगाराची चाकरी दिली. गोपीनाथाक आतां दोब्राद पगार मेळूंक लागलो. पयलींभशेन तो सायकलीन भोंवना जालो; ताका स्कूटर मेळ्ळी. पूण गोपीनाथाक कामांत आस्था नासली. ताचें लक्ष आनीक मुखार आसलें. ती सिरवीस सोडून तो व्हडले कंपनींत मॅनेजराच्या पदार पावलो. एक देड वर्स ताणें ही नवी सिरवीस केली पूण तो समाधानी नासलो.

गजान आतां दोन दुकानां विकतीं घेतलीं. घर बांदलें. मोटार घेतली. कामाफुडें ताका हेर कांय पडूंक नासलें. आतां वेपारांतल्यो सगल्यो फिशालकायो ताका कळिल्ल्यो. जें काम आपूण करतालों तातूंत ताणें आपलें जिवीत ओंपलें आनी खऱ्यांनीच गजा एक व्हड वेपारी जालो. आनी हांगा चार दीस थंय चार दीस, करतां करतां गोपीनाथाली हुशारकाय खंयचे खंय शेणून गेल्ली. अस्थीर मनीस खंयच दीस काडूंक शकना. आयज गोपीनाथ सायकलीचेर भोंवून पेपर विकता ..... आनी गजा! एक येसस्वी वेपारी म्हणून शारांत मानसन्मानान जगता!

अभ्यास

सकयल दिल्ल्या मुद्द्यांचेर आदारून काणी बरयात आनी तिका फावोशें नांव दियात :

१. एक तवनास भुरगो --------------- शेजाऱ्याल्या घराक उजो लागला अशे फटीचें फोन करप --------------- उजो पालोवपी जवानांक उठाबशी काडूंक लावन हांसप -- ---------------- एक दीस भुरग्याल्या घराकूच उजो लागप ------------------ ताकतिकेन फोन करप ----------------- सदचेभशेन फट समजून उजो पालोवपी दळान दुर्लक्ष करप -------------------- देख.

२. एका कावळयाक मोर जायन दिसप -------- -------------- जायतीं मोरापांखां आपल्या पांखाट्याक लावन मोर समजून नाचप ---------------- पावस आनी वाऱ्यान पांखां शेणप ------------------- कावळयालें सवंग उकतडार येवप ------------------- देख.

३. एक राजा खूब दुयेंत पडप ----------------- वखदाक गूण येवप ना ---- ---------------- साधवान उपाय सुचोवप ------------------- सगल्यांत सुखी मनशाले कपडे राजान घाल्यार राजा बरो जातलो अशें सांगप ----- ------------- राजाले शिपाय सगल्याक भोंवप ------------------ सुखी मनीस मेळपाक कठीण जावप -------------------- निमाणें एके खोंपींत एक गरीब मनीस मेळप ------------ ताच्या आंगावयलो पिंजको वालो राजाक दाखोवप ----------------- राजाक सुखाचो खरो अर्थ समजप --------------- देख.

४. मंदार एक मस्तो भुरगो -------------- दीसभर गोफीण घेवन भोंवप ---------------- शेवण्यांक धरून पांदऱ्यांत बंद करप -------------- एक दीस मंदाराक सपन पडप -------------------- सपनांत मंदारूच शेवणें जावन पांदऱ्यांत बंद जावप ------------------- मंदारान सपनांतल्यान भियेवन जागो जावप --------------- पांदऱ्यांतल्या शेवण्यांक सोडून दिवप ------------------ देख.

५. एक कोलो चुकून बांयंत पडप ------------- वाटेन एक बोकडी वचप -------------- बोकडेक अजाप जावप --------------- बांयंत कितें करता असो प्रस्न करप --------- बांयचें उदक म्होंवापरस गोड ----------------- बोकडेक खरें दिसप ------------ बांयंत उडकी मारप ---------------- कोल्यान बोकडे फाटीवयल्यान बांयंतल्यान वयर सरप ------------ देख.

●

४ आकलन

सकयल दिल्लो उतारो वाचून ताचे खाला दिल्ल्या प्रस्नांच्यो जापो बरयातः

१. २६ सेतेंब्र १९५८ ह्या दिसा त्रि. ब्रा. कुन्य ह्या संवसाराक अंतरले. आपली मायभूंय मुक्त जाल्ली पळोवपाचें भाग्य मात तांकां मेळ्ळेंना. गोंयचे तशेंच भारताचे स्वतंत्रतायेखातीर तांणी जायते त्रास सोंसले. ते एक व्हड भारतीय देशभक्त आसले. तांणी देशाखातीर जायतो त्याग केलो. ते एक प्रमाणीक आनी नितीवंत देशप्रेमी आसले. आमी तांचो वावर केन्नाच विसरचेनात.

प्रस्न :

१. 'अप्रमाणीक' ह्या उतराच्या उरफाट्या अर्थाचें उतर उताऱ्यांतल्यान सोदून काडून बरयात.

२. त्रास सोंसप ह्या उतराक समान अर्थाचें उतर दियात.

३. भारताचे स्वतंत्रतायेखातीर त्रि. ब्रा. कुन्यान कितें केलें?

४. त्रि. ब्रा. कुन्याक खंयच्या दिसा तांकां मरण आयलें?

जापो :

१. प्रमाणीक

२. कश्ट सोंसप

३. तांणी जायते त्रास सोंसले; त्याग केलो.

४. २६ सेतेंब्र १९५८ ह्या दिसा मरण आयलें.

२. ईद हो सण आमचे मुसलमान भाव मोटे उमेदीन मनयतात. इदा दिसा मुसलमान लोक मशिदींत वचून नमाज म्हणटात. आनी मागीर वेंग मारून "ईद मुबारक" अशें म्हणून एकामेकाक इदाचीं परबीं दितात. इदा दिसा दर एका घरांत गोडशें करतात. हातूंत 'शिरकुर्मा' म्हणल्यार शेवयांची खीर हो पदार्थ करतातूच. बकरी इदा दिसा मुसलमान लोक गरिबांक दान धर्म करतात. इदा निमतान जायतेकडेन तरेकवार कार्यक्रम जातात.

प्रस्न :

१. ईद हो सण खंयचो समाज मनयता?

२. कोडू ह्या उतराच्या उरफाट्या अर्थाचें उतर खंयचें आयलां तें बरयात.

३. मुसलमान लोकाल्या प्रार्थनाथळाक कितें म्हणटात?

४. इदाचीं परबीं कशीं दितात?

जापो :

१. ईद हो सण मुसलमान समाज मनयता.

२. गोड.

३. मशीद.

४. एकामेकाक वेंग मारून ईद मुबारक अशें म्हणून ईदाचीं परबीं दितात.

३. मुंबय खूब व्हड शार. भारतांत जीं कांय मुखेल शारां आसात तातूंत मुंबयचें स्थान बरेंच वयर आसा. हांगा जिनसांवार जातीधर्मांचे लोक आपलेपणान रावतात. मळबाक तेंकपी ऊंच ऊंच इमारती, रातदीस रस्त्यांवयल्यान धांवपी मोटारी आनी मोटे मोटे कारखाने हांकां लागून ह्या शारांत प्रदुशणाचो प्रस्न निर्माण जाला. मुंबयंत राणीबाग, गेटवे ऑफ इंडिया, हँगीग गार्डन, म्युझियम आनी राष्ट्रीय उद्यान पळोवपा सारकींच आसात. मुंबयची गरदी आनी तरेकवार वस्तूंनी सजयल्ले मांड पसरे पळोवन आमची तानभूक न्हिवता.

प्रस्न :

१. परकेपण ह्या उतराच्या उरफाट्या अर्थाचें उतर उताऱ्यांतल्यान सोदून काडून बरयात.

२. 'जिनसांवार' ह्या उतराचो अर्थ बरयात.

३. मुंबयंत प्रदुशण कित्याक लागून जालां?

४. मुंबय शारांतल्यो पळोवपा सारक्यो गजाली खंयच्यो?

जापो :

१. आपलेपण

२. तरातरांचे / अनेक तरांचे

३. रातदीस रस्त्यांवयल्यान धावपी मोटारी आनी मोट्या मोट्या कारखान्यांक लागून प्रदुशण जालां.

४. राणीबाग, गेटवे ऑफ इंडिया, हँगीग गार्डन, म्युझियम, राष्ट्रीय उद्याना.

४. विज्ञान आमचें मनोरंजन करता. टिवी रेडिओ सारक्या माध्यमांतल्यान आमचें मनोरंजन जाता इतलेंच न्हय, तर जगांत खंय कितें घडटा ताची खबरूय मेळटा. विज्ञानाक लागून आमकां आयज मनशाचे कुडीचें गिन्यान मेळपाक पावलें. मनशाक कसलेय रोग जालो जाल्यार आयज आमी तो बरो करूंक शकतात. शेतांभाटांनी लेगीत विज्ञान आपलो शेक गाजयता अशें म्हणल्यार जाता. जंतूनाशकां, ट्रॅक्टर आनी शेतांतलीं आधुनीक आवतां, सारें आनी बीं बियाणांक लागून आयज शेतांतलें उत्पन्न वाडूंक लागलां.

प्रस्न :

१. शरीर ह्या उतराक समान अर्थाचें उताऱ्यांत आयिल्लें उतर सोदून काडात.

२. 'शेक गाजोवप' ह्या उतराचो अर्थ सांगात.

३. विज्ञान मनशाचें मनोरंजन कशें करता?

४. विज्ञानान शेतकामत्याक कशे तरेन फायदो केला?

जापो :

१. कूड

२. अधिकार गाजोवप

३. रेडिओ आनी टीवी हांच्या माध्यमांतल्यान.

४. जंतूनाशकां, ट्रॅक्टर आनी शेतांतलीं आधुनीक आवतां, सारें हांकां लागून शेताचें पीक वाडलां.

सकयल दिल्ल्या उताऱ्याचेर आदारून कांय प्रस्न दिल्यात तांच्यो जापो बरयातः

१. श्रावण म्हयन्यांत पुनवे दिसा रक्षाबंधनाचो कार्यक्रम सगल्याक जाता. ह्या दिसा भयण भावाक राखी बांदता. राखी ही भयण भावाच्या नात्याचें एक पवित्र प्रतीक. राखी बांदप म्हणल्यार भाव भयणीचें रक्षण करतलो अशें उतर दिवप. ह्या वेळार भाव भयणीक भेट दिता. रक्षाबंधनाचो कार्यक्रम फकत हिंदूच न्हय जाल्यार हेर समाजांनीय जाता. मेवाडचे राणयेन दिल्लीच्या हुमांयूं ह्या पातशाक धाडिल्ली राखी इतिहासीक जावन उरल्या.

प्रस्न :

१. अपवित्र ह्या उतराच्या उरफाट्या अर्थाचें उतर खयचें आयलां ?

२. राखी बांदलेउपरांत भयण भावाक भेट दिता. विधान चूक आसल्यार सुदारून बरयात.

३. राखी बांदले उपरांत भाव भयणीची कसली जबाबदारी घेता ?

४. रक्षाबंधनाचो कार्यक्रम खंयच्या दिसा येता ?

WORLD KONKANI LIBRARY
Accn No: 000123

२. झाडांपसून तरेकवार दुयेंसांचेर वखदां तयार करतात. पुर्विल्ल्या काळार सगलींच वखदां झाडांपसून तयार जातालीं. आयज लेगीत झाडांपसून आर्युर्वेदीक वखदां तयार करतात. झाडां मनशाक जायतीं उपेगाक पडटात. झाडां पावस हाडटात. जंय झाडां उणीं थंय पावस उणो. पावस ना जाल्यार अन्नधान्य पिकना. उणो पावस पडलो म्हणजे शेतां मळे करपून वतात. झाडां आसतात थंय हुंवार येनात. झाडांचीं मुळां माती ओडून धरतात. हाका लागून माती व्हांवून वचना. अशे तरेन जमीन सुपीक जाता.

प्रस्न :

१. 'पिकाळ' ह्या उतरा जाग्यार उतार्‍यांत आयिल्लें समान अर्थाचें उतर सोदून काडून बरयात.

२. आर्विल्ल्या ह्या उतरा जाग्यार उतार्‍यांत आयिल्लें उलट अर्थाचें उतर सोदून काडून बरयात.

३. झाडां उणीं जाल्यार कितें जाता ?

४. जमीन सुपीक उरपाक झाडां कशे तरेन काम करतात ?

५ अणकार

अ. सकयल दिल्ल्या उतान्याचो कोंकणींत अणकार करात :

1. Madhuri is a clever girl. She stands first in the class. She likes music. She takes a lot of interest in sports and games.

   माधुरी एक हुशार भुरगें. तें ताच्या वर्गांत पयलें येता. ताका संगीत आवडटा. तें खेळांनी खूब रस घेता.

2. Pinki was not well. So she remained absent for the class. Mini, her classmate, helped Pinki. Pinki studied at home and prepared for the examination.

   पिंकी बरें ना जालें. हेखातीर तें वर्गांत गैरहाजीर आसलें. मिनीन, पिंकीले वर्गमैत्रिणीन, ताका मदत केली. तें घरा शिकलें आनी परिक्षेची तयरी केली.

3. At night Gaurav saw the doll in his dream. In the dream the doll had tears in her eyes and was saying, Do not cry Gaurav Bhayya!

   तें रातीं गौरवान सपनांत ती बावली पळयली. सपनांत बावलेच्या दोळयांत दुकां आसलीं आनी ती म्हणटाली गौरव भैया!, रडूं नाका!.

4. This year there were a lot of mangoes in the market. I like fruits very much. I can eat three to four mangoes at a time. Do you know my younger brother Rahul does not like fruits?

   ह्या वर्सा बाजारांत जायते आंबे आयिल्ले. म्हाका आंबे खूब आवडटात. हांव एका वेळार तीन चार आंबे सहज खातां. तुका खबर आसा? म्हज्या धाकल्या भावाक राहुलाक फळां म्हणटात तीं आवडनात.

5. Pandit Jawaharlal Nehru was our first prime minister. He was born on 14th November at Allahabad. He liked cshildren very much. Children called him Chacha Nehru.

पंडीत जवाहरलाल नेहरू हे आमचे पयले प्रधानमंत्री. तांचो जल्म अलाहबादेक १४ नोव्हेंब्राक जालो. तांकां भुरगीं खूब आवडटालीं. भुरगीं तांकां चाचा नेहरू ह्या नांवान वळखतालीं.

आ. <u>सकयल दिल्ल्या उताऱ्याचो इंग्लीशींत अणकार करात</u> :

१. सुभाषचंद्र बोसांक आमी नेताजी ह्या नांवान वळखतात. तांचो जल्म २३ जानेवारी १८९१ ह्या दिसा बंगालांत जालो. बीएची परीक्षा दिले उपरांत इंग्लंडाक वचून तांणी आयसीएस ही कठीण परिक्षा दिली आनी ते पास जाले.

Subhash Chandra Bose was known as Netaji. He was born on 23rd January 1891 in Bengal. After passing his BA degree examination, he went to England and passed the very difficult ICS examination.

२. आमी पर्यावरणाचो सांबाळ करूंक जाय. दर एकल्यान एकूच झाड रोयल्यार ही धरतरी पाचवीचार जातली. झाडां हवामान थंड दवरतात. झाडां मनशाक प्राणवाय दितात.

We must preserve the environment. If each one of us grows one plant then the earth will become green. Trees keep our temperature cool. Trees give us oxygen.

३. रघू म्हजो शेजारी. तो सदांच उठून शेतांत वता. दीसभर तो कश्ट करता देखून तो शेतांत जायतीं पिकां काडटा. खऱ्यांनीच, शेतकामती आमच्या देशाचो एक व्हड आदार कारण तो रोयता म्हणून आमकां दाणोगोटो मेळटा.

Raghu is my neighbour. Every day he goes to the field. He cultivates a lot of crops because he works hard. Really a farmer is a great strength of our country. We get foodgrain because he grows it in the field.

४. सुटी पडच्या आदल्या दिसा तो शाळेचो निमाणो दीस आसलो. सगलीं जाणां परिक्षेच्या निकालाची उमळशिकेन वाट पळयतालीं. जेन्ना हेडमास्टर निकाल घेवन आयलो तेन्ना थंय किण्ण शांतताय पातळिल्ली.

It was the last day of school before the vacations were to begin. All were in a happy mood. The children awaited the results anxiously. There was pindrop silence when the headmaster came to announce the results.

५. त्या दिसा हांव बाजारांत वतना हांवें एक अपघात पळयलो. एका ल्हान भुरग्याक बरोच मार लागिल्लो. त्या जाग्यार जायतो लोक जमिल्लो. त्या भुरग्याची आवय मजत मेळची म्हणून मोट्यान बोवाळ मारताली.

That day when I was walking to the market, I saw an accident. A small boy was badly hurt. A big crowd had gathered near him. His mother was shouting for help.

विश्व कोंकणी ग्रंथालय • WORLD KONKANI CENTRE LIBRARY • 101

LIBRARY

WORLD KONKANI CENTRE

Shakthinagar, Mangalore.

No: **Acc. No:**

Issued on	Borrower's No. And Signature	Returned on

K

WORLD KONKANI CENTRE,
SHAKTHINAGAR, MANGALORE

TITLE: Master Writing In Konkani STD VI

YEAR: —

LD KONKANI CENTRE
LIBRARY
SHAKTHINAGAR D. K.

No. ____________

ooks lost, torn, defaced, m...ked or damaged in any way shall have to be eplaced by the borrower.

ooks issued can be recalled at any time, necessary.

HELP TO KEEP THIS BOOK
FRESH & CLEAN

CONSTANT

SANGATI

ON THE ROAD TO SUCCESS

A MUST FOR EVERY STUDENT

A time tested companion of students and teachers

Publisher :
RAJHAUNS VITARAN
1 - Meenakshi Building,
Dr. Wolfango da Silva Marg,
Panaji - Goa 403 001
Ph.: (0832) 2220320, 2232177
E-mail: rajhauns@goatelecom.com